# बूथ स्थरीय अधिकारी ई-पत्रिका




## एनव्हीडीचेर खाशेली आवृत्ती "आदर्श बीएलओ: उत्तम पद्धतींतल्यान शिकप"

जानेवारी, 2025

वॉल्यूम 15

# एनव्हीडीची संकल्पना

25 जानेवारी हो दीस राष्ट्रीय मतदार दीस म्हूण मनयतात, हो दीस भारत वेंचणूक आयोगाचे स्थापनेचो वर्सुकी स्मृतीदीस म्हूण मनयतात. दर वर्सा 10.5 दशलक्ष मतदान केंद्रांचेर ह्या निमतान वेगवेगळ्या कार्यावळींचें आयोजन करतात. हे मेळावे राष्ट्रीय पांवड्या वयल्यान वैयक्तीक मतदान केंद्रां मेरेन सगळ्या भागधारकांचो आसपाव आशिल्ल्या मतदारांच्या व्यापक आनी वेगवेगळ्या वांटेकाराचो सजीव आनी बळिश्ट प्रात्यक्षीक म्हूण काम करतात. ह्या दिसा मतदार, लोकशाय प्रक्रिये विशीं आपली वचनबद्धताय बळिश्ट करून मतदारांचो सोपूत लेगीत घेतात.

## मतदारांचो सोपूत

'आमी भारताचे नागरीक, लोकशायेचेर कायम विस्वास दवरून, आमच्या देशाची लोकशाय परंपरा आनी मुक्त, निश्पक्ष आनी शांततायेचे वेंचणुकेची प्रतिश्ठा तिगोवन दवरपाची आनी धर्म, वंश, जात, समाज, भास वा खंयच्याय प्रलोभनाच्या विचारांचो प्रभाव पडनासतना निर्भयपणान आनी दरेकी वेंचणुकेंत मतदान करपाचो सोपूत घेतात'.

**एनडीटीव्हीन हालींच एक कार्यावळ आयोजीत केल्ली, जातूंत भारताचे मुख्य वेंचणूक आयुक्त (सीईसी) राजीव कुमार हांच्यांनी तांच्या मोलादीक अंतर्दृश्टीची माहिती दिल्ली जी प्रत्येकान आयकूंकच जाय.**




## संपादकीय समिती

एन.एन. बुटोलिया,
वरिश्ठ प्रधान सचीव
(वेंचणूक वळेरी)

अशोक कुमार,
उप-म्हासंचालक
(आयटी)

कुलदीप कुमार सहारावत,
संचालक (प्रशिक्षण),
IIIDEM

दीपाली मसिरकार,
संचालक
(वेंचणूक नियोजन)

मधुसुदन गुप्ता
सचीव. ईव्हीएम

संतोष कुमार
सचीव, स्वीप

## संपादकीय पंगड

आर. के. सिंह
समन्वय, स्वीप

फराह अल्वी,
ग्राफीक डिझायनर, स्वीप

राशी सक्सेना,
विभागीय अधिकारी,
स्वीप




# 15वो राष्ट्रीय मतदार दीस

2011 सावन राष्ट्रीय मतदार दीस मनयतात आनी हो दीस देशांतल्या मतदारांक समर्पीत आसा. ह्या वर्साच्या राष्ट्रीय मतदार दिसाची संकल्पना, 'मतदाना सारकें कांयच ना, हांव खात्रीन मतदान करतां' मतदारां खातीर एक भावपूर्ण समर्पण आसा, जे त्यांच्या मतांच्या प्रभावी अभिव्यक्ती वरवीं वेंचणूक प्रक्रियेंत वांटेकार जावपी व्यक्तींच्यो भावना आनी आकांक्षा व्यक्त करतात.

राष्ट्राचो फुडार घडोवंक दरेक मताचें म्हत्व लोकां मुखार हाडप.

## विशयाचें म्हत्व:

राष्ट्रीय मतदार दिसाची संकल्पना संस्था आनी व्यक्ती हांचे मदली सामायीक जबाबदाऱ्यो अधोरेखीत करता. निश्चीत किमान सुविधा, आदर्श मतदान केंद्रां, सॅल्फी बूथ आनी घरा कडेन मतदान करप हे तेरेचे नाविन्यपूर्ण उपक्रमां वरवीं भारत वेंचणूक आयोग (ईसीआय) मतदारांच्या चड सहभागाक प्रोत्साहन दिता. दरेकी नागरिकांक सर्वसमावेशकताय, सुलभताय आनी एकूण मतदानाचो अणभव वाडोवंक हे उपाय तयार केल्यात. लोकशाय बळिश्ट करूंक मतदान करप हो व्यक्तीं खातीर अधिकार आनी कर्तव्य, अशे दोनूय आवश्यक आसा. ह्या लोगोंत लोकशायेचें प्रतीक अशोक चक्र, मतदार सक्षमीकरणाचें प्रतीक आशिल्लें शायेचें बोट आनी माहितीपूर्ण निर्णय घेवपाचें प्रतीक टिक मार्क अशें सुवाळ्याचो सार आसा. एकत्रीतपणान, ते आत्मविश्वास, समावेशकता आनी सक्रियतेक प्रेरीत करतात.

## राष्ट्रीय मतदार दिसाची लोकां मेरेन पावपाची व्याप्ती आनी प्रभाव वाडोवप

बीएलओची भुमिका म्हणल्यार राष्ट्रीय मतदार दीस लोकप्रिय करप आनी जागृतायेचो उणाव, अप्रासंगिकताय समजप, मर्यादीत संपर्क, आनी भाशेचे आडमेळीं सारकिल्या आव्हानांक तोंड दिवप, बूथ पांवड्या वयले अधिकारी म्हत्वाची भुमिका निभयतात.

**जागरूकताय वाडोवची:**
प्रभावी पोस्टर, माहितीपूर्ण पत्रकां आनी आकर्शक डिजीटल प्लॅटफॉर्मांच्या माध्यमांतल्यान करप. नागरिकांचे सशक्तीकरण आनी लोकशायेची बुन्याद घटमूट करूंक ताची म्हत्वाची भुमिका अधोरेखीत करप.

**समुदायांक वांटेकार करून घेवप:**
सुवाळो आकर्शक आनी संबंदीत करूंक सीईओ कार्यालयान आयोजीत केल्ल्या प्रश्नमंजुशा, भासाभास आनी सांस्कृतीक सादरीकरणां सारक्या संवादात्मक कार्यावळींनी वांटो घेवंक नागरिकांक प्रोत्साहन दिवप.

**शारी उदासीनते कडेन लढो:**
आभासी सोपूत आनी मतदान केंद्राच्या कार्यावळींतल्यान शारी वांट्याक उर्बा दिवप.

**मुखेल कार्यावळी आयोजीत करप:**
नव्या मतदारांक ईपीआयसी कार्डां वांटप, एनव्हीडी सोपूत प्रशासनाचें फुडारपण करप आनी व्यापक वांट्या खातीर सोशल मिडिया आनी व्हाट्सएप ग्रुपांत सर्जनशील दृकश्राव्य साहित्य वांटप.

**वेव्हाराक थळावें रिप दिवप:**
भाशीक आनी सांस्कृतीक नदरेन संबंदीत आशिल्ले तयार केल्ले संदेश, मतदानाचो थळाव्या समाजांचेर कसो परिणाम जाता तें दाखोवप.

**तळागाळांतले येल बळिश्ट करप:**
ग्रामीण आनी उपेक्षीत भागांत सर्वसमावेशक उत्सव सुनिश्चीत करपाक पंचायत, आरडब्ल्यूएचे प्रतिनिधी आनी विकास विभागाचे अधिकारी आनी आशा कार्यकर्त्यां सारक्या स्थानीक आपवावुरप्यां कडेन सहकार्य करप.

ह्या उपक्रमांक लागून बीएलओ राष्ट्रीय मतदार दीस व्हडा प्रमाणान मनोवंक शकतात, लोकशाय मुल्यां वाडोवंक मेळटात आनी मतदारांच्या वाडट्या सहभागाक प्रेरणा मेळटा.

बीएलओंक आतां समाजांतल्या वेगवेगळे माचयेचेर आनी प्रसंगी योग्य ती मान्यताय आनी प्रशंसा मेळटा. ह्या कार्यक्रमांत, एनडीटीव्हीन वेगवेळ्या क्षेत्रांतल्या उत्कृश्ट कलाकारांक सन्मानीत करतात, जंय जायते बीएलओंक तांच्या अपवादात्मक योगदाना खातीर सन्मानीत करतात.



From left to 4th position (Ms. Anita Minj, Blo, Jharkhand)

# तळागळांतली माहिती



## बूथ पांवड्या वयल्या अधिकाऱ्यांचो प्रेरणादायी प्रवासः-



- नांवः युनूस सलीम
- प्रभाग क्रमांकः 82 मन्नारक्कड (054) पलक्कड, केरळ

युनूस सलीम एस.आर. हो 30 नोव्हेंबर 2010 सावन बूथ पांवड्या वयलो अधिकारी म्हूण कार्यरत आसा. ही भुमिका उमेदीन स्विकारतना हांवे बीएलओचें प्रशिक्षण सत्रांत सक्रीय वांटो घेवन आनी वेंचणूक आयोगाच्या संकेतथळाचेर उपलब्ध संसाधनांचो अभ्यास करून स्वताक आवश्यक गिन्यान आनी कुशळटायेन सुसज्ज करपाचो येत्न केला.

अखिल भारतीय फुटबॉल महासंघाचे राष्ट्रीय पंच आशिल्ल्याचोय म्हाका म्हज्या वाठारांतल्या फुटबॉल मोगीं कडेन संवाद सादपाचो एक वेगळो फायदो जाला. शुद्ध मतदार वळेरी आनी मतदार पत्रकांचें योग्य वितरण सुनिश्चीत करपा खातीर, हांवें घराघरांनी तपशीलवार भेटी घेतल्यो आनी प्रत्येक घराक विशेश क्रमांक दिवन मतदान केंद्रांचो नकासो तयार केलो. Excelचो वापर करून, हांव मतदारांची माहिती काटेकोरपणान वेवस्थापीत केली, मतदान केंद्र क्षेत्रा भायल्या मतदार आनी मतदारांची डुप्लिकेट सोदून काडली. देरकी वेंचणुके उपरांत, हांव मतदान करूंक नाशिल्ल्या मतदारांच्या वळेरीचें विश्लेशण केलें आनी ते वरवीं मतदार वळेरी अद्यावत आनी परिष्कृत करपाचे काम केले.

## वेचणुकेंतलीं आव्हानां समर्पणान सोडोवप





नांव-जोयिता सरकार
विधानसभा मतदारसंघ क्र.- 187, चाम्पदानी विधानसभा मतदारसंघ, पश्चीम बंगाल
प्रभाग क्र.-124, चौक प्राथमीक विद्यालय

एसएसआर 2025 च्या पूर्व-सुदारणा कालावधींत बूथ पांवड्या वयली अधिकारी म्हूण श्रीमती जोयिता सरकार. प्रक्रियात्मक आडमेळींक लागून मृत मतदारांक काडप  कठीण जालें.

छबी माझी ह्या अशिक्षीत  बायलेक दस्तावेज मेळोवपा खातीर प्रशासकीय डॅस्का कडेन समन्वय सादून आपलें नांव नोंद करूंक मजत करप आनी फॉर्म 6 भरप हें तांच्या यत्नांची उल्लेखनीय देख आसा. तेच प्रमाणें मृत्यू जाल्ले मतदार जादू गोपाल भट्टाचार्य हांचे कुटुंबियांक मृत्यूप्रमाणपत्र मेळोवंक कश्ट करचे पडले तेन्ना तें जारी करपाची सोय केली, फॉर्म 7 भरलें आनी तांचे नांव मतदान वळेरींतल्यान वगळावपाची प्रक्रिया केली. ही देख सर्वसमावेशक आनी अचूक मतदार वळेरी सुनिश्चीत करपा खातीर तांची वचनबध्दता अधोरेखीत करतात.

## त्या विधवा मतदाराक म्हजो सलाम



नांव : कुलदीप सिंग सोळंकी
प्रभाग क्र. : 90, ग्रामपंचायत भवन, बंजाळी, 219 रतलाम ग्रामीण (म. प्र. )

हालींच मध्य प्रदेशांत जाल्ले विधानसभा आनी लोकसभा वेंचणुकेंत चडशा सुवातींनी मतदानाचें प्रमाण उणें आसा. दोनूय वेंचणुको स म्हयन्यां भितर जाल्ल्यो. विधवा मतदार श्रीमती सविताबाय निनामा हांची ही काणी मतदानाचें म्हत्व आनी लोकशायेंत बायलांचे भुमिकेचेर उजवाड घालता. कांय दिसां पयलीं आपल्या घोवाक मरण आयिल्ल्यान घरा भायर वचपाक बंदी आसली तरी मतदानाच्या दिसा सविताबाय आपल्या पुताक घेवन मतदान मतदान करपा खातीर सविताबायन उतावळीन मतदार वळखपत्र, आधार कार्ड सारकीं गरजेचीं कसलीच कागदपत्रां हाडलीं नात. वेंचणूक अधिकाऱ्यान तिका मतदान करपा पासून आडायली, निर्शेली पूण निर्धारीत मनान तिणेन मतदान करपाचें थारायलें. ऑनलायन आधार कार्डाची मूळ प्रिंट 150 रुपयांक विकती घेवन तांणी रतलाम शारांत एका संगणक केंद्रा कडल्यान दुसऱ्या संगणक केंद्रा कडेन संपर्क सादलो. मतदान केल्या उपरांत आवय आनी पूत आपल्या घोवाचे तेरा – दीस उपरांतचे – मरण विधी पुराय करपाक आपल्या गांवांत वचूंक भायर सरलीं.
ते दिसाची ही घडणूक पळोवन हांवें सविताबायक मनांतल्यान सलाम केलो आनी एक अशिक्षीत आनी जागृत मतदार आशिल्ल्यान तिची लोकशाये विशीं आशिल्ली अखंड आस्था, निर्धार आनी बांधिलकी पळोवपाक म्हज्या काळजाक कसलीच मर्यादा नाशिल्ली. लोकशाय घटमूट करपा खातीर आमच्या देशांतले सगळे मतदार सविताबाय सारके जापसालदारकेन मतदानाचो हक्क वापरपाक लागले जाल्यारूच लोकशायेचीं मुळां निश्चीतपणान बळीश्ट आनी सखोल जातलीं.

## एकठांय येवन आमी येसस्वी जातले, एकठांय जावन आमी मुखार सरतले.



नांव: प्रेम सिंग
प्रभाग क्र. : 168, काशी नगर, नागौर, उपविभाग मकराणा, राजस्थान

प्रभाग क्रमांक 168 चो वाठार 8 – किलोमीटर परिघाचो आसा, जातूंत चडशे राबितो फार्म हावस आनी शिंपडिल्ल्या वसणुकांनी रावतात. जेन्ना जेन्ना बूथाचेर मतदार नोंदणी शिबिरां आयोजीत करतात तेन्ना त्या वाठारांतल्या सगल्या मतदारांक एक दीस पयलीं म्हायती मेळटली हाची जतनाय घेतात.
मतदार वळखपत्रां आधार क्रमांका कडेन जोडपाचें काम सुरु जालें तेन्ना हांव दरेकी मतदारा मेरेन पावलों आनी अथक परिश्रम घेतले. ह्या यत्नांचो परिणाम म्हूण हांवें वाठारांतल्या 95 टक्के मतदारांक आधारा कार्डा कडेन येसस्वीपणान जोडले. हाचे वांगडाच हांवें सगल्या मतदारांक मतदानाचें म्हत्व सांगलें आनी तांकां मतदान करूंक उर्बा दिली. मतदारांनी दाखयल्लो उत्साह उल्लेखनीय आशिल्ल्यान मतदान केंद्राचेर व्हड प्रमाणान मतदान जालें. आतां ह्या वाठारांत म्हाका वळख नाशिल्लो कोणूच मतदार ना. म्हज्या आयकिल्ल्या कामाचो आनी सातत्यान पावपाचो हो परिणाम आसा, जाका लागून हांगा 96 टक्के मतदान टक्केवारी मेळोवपाक मजत जाल्या. हे कामगिरी खातीर राजस्थानाच्या मानदीक राज्यपालान म्हाका राज्य पांवड्यावयलो पुरस्कार भेटोवन भोवमानीत केलो.

## वेंचणूक उत्कृश्टताये खातीर कटिबद्ध आशिल्लो बीएलओ



नांव- चंद्र बहादूर छेत्री
प्रभाग क्रमांक 3/8 गितांग, 03 – मनीबंग देंतम, ग्यालशिंग, सिक्कीम

मनीबोंग दंतम मतदार संघांतल्या जागृदुंगाचे निवासी श्री. चंद्र बहादूर छेत्री हे दंतम बीएसी हांगा ग्रामीण उदरगत खात्या अंतर्गत ग्राम रोजगार सहाय्यक (जीआरएस) म्हूण काम करतात. 3/8 गितांग ब्लॉकाचो बूथ स्थरीय अधिकारी (बीएलओ) म्हूण ताणें केल्ल्या वावरांत अपवादात्मक समर्पण आनी परिश्रम दाखयल्यात. श्री. छेत्री हांणी बीएलओ एप वापरून एक सर्वसमावेशक घर-घर सर्वेक्षण कार्यक्षमपणान केलें आनी पात्रताय तारखे वांगडा विशेश सारांश फेरविचार येसस्वीपणान केलो, आनी वेंचणूक प्रक्रियेंत उत्कृश्टतायेची आपली बांधिलकी दाखयली.

## शारी उदासीनताय हाताळप: बीएलओचो दृश्टीकोन



**नांव- कृष्णा वेणी**
**प्रभाग क्र. : – 163, 117 भद्राद्री कोथागुडेम, तेलंगणा**

कुमारी कृष्णा वेणी ही कोठागुडें मतदान केंद्रांत फाटल्या 18 वर्सां खातीर बूथ स्थरीय अधिकारी आसून ती 126 मतदारां सयत 1890 लोकसंख्या आशिल्ले शारी संघटणेंत आसा. लागसारच्या गांवांतले/आदिवासी वाठारांतले दिसवड्यार काम करपी कामगार, स्थलांतरीत, विद्यार्थी आनी हेर सारकिल्या विशम लोकसंख्येचो आसपाव करुन तिणें बीएलओचीं कर्तव्यां येसस्वीपणान पार पाडपा खातीर सगळ्यां कडेन परिपूर्ण संबंद तयार केले.

हे दिकेन, तिणें घर- घरांनी वचून सत्यापनाचेर लक्ष केंद्रीत केलें, जें मतदार वळेरींत जोडूंक, काडून उडोवंक वा बदल करूंक, थारायिल्ले प्रक्रियेक योग्य तरेन पाळो दिवंक म्हत्वाचें आसा; विशेश सारांश पडताळणीचो एक भाग म्हूण 2/5 कीलोमिटर धांवप, रांगोळी सर्त, बूथ जागृताय गटांची बसका आनी हेर मतदार गुंतवणूक कार्यावळींत खासा मोहिमेचे दीस आयोजीत केल्यात.

डब्ल्यूसीडी, भलायकी आनी हेर सरकारी खात्याच्या फ्लॅगशिप कार्यावळीं वांगडा हेर मुखेल कार्यावळींनी मतदार जागृताय करुन लिंग, दिव्यांगताय आशिल्ली व्यक्ती, ज्येश्ठ नागरीक, वेश्या आनी हेर उपेक्षीत गटांची नोंदणी करपा खातीर खासा यत्न चालू आसात.

"नांव नोंदणी आनी फेरबदल खातीर फॉर्म तयार करपा खातीर [ जशे 6,8] बीएलओ एप वापरुं येता ही खूब समाधानाची आनी अभिमानाची गजाल आसा; ताका लागून तरणाट्यां मतदारांक आपलीं ईपीआयसी कार्डां थेट घरां मेरेन पावयतात", अशें वेणी म्हणटात.

फाटले सार्वत्रीक वेंचणुके वेळार मतदान केंद्रांतल्या सगळ्या मतदारांक मतदार माहिती स्लिप आनी मतदार मार्गदर्शक तशेंच दिव्यांग, ज्येश्ठ नागरीक आनी गरजेवंत व्यक्तींक योग्य आदार मेळटलो हाची खात्री करुन घेतिल्ली. ह्या यत्नांक लागून 2024 वर्सा जाल्ले सार्वत्रीक वेंचणुकेंत मतदान 67 टक्क्यां वयल्यान 70.2 टक्क्यांचेर पावलें.

URL:
https://drive.google.com/file/d/1YiVRlxLYsi_uAJIynNULYuCRrzMruejW/view?usp=sharing

URL चेर क्लिक करचें

## देशभरांतल्या हेर बीएलओ खातीर ब्लूप्रिंट



**नांव- सुनिता वर्मा**
**प्रभाग क्र. : - 60128 धार, जिल्लो - चौपाल, शिमला-शारी, हिमाचल प्रदेश**

समुदाय गुंतवणुकेची फाटभूंय आशिल्ल्यान, 2024 वर्साच्या राज्य विधानसभा वेंचणुके वेळार आपल्या बूथाक विक्रमी मतदान मेळटलें हाची खात्री करपा खातीर तिणें अभिनव तंत्र आनी डिजिटल साधनां एकठांय केलीं. पयलेच खेपे मतदार आनी वंचीत गटाक तांच्या वेंचणूक हक्का विशीं शिक्षण दिवपा खातीर तिणें समुदाय केंद्रांनी कार्यशाळा घडोवन हाडल्यो. ही प्रक्रिया चड सुलभ करपा खातीर, तिणें मतदार हॅल्पलायन एप आनी सी – व्हिजिल सारकिल्या साधनांचो वापर केलो, नागरिकांक वास्तवीक – वेळ कागाळ निवारण आनी नोंदणी करण अद्यावत करूंक मजत केली.

सुनीतान थळाव्या शाळा महाविद्यालया वांगडा सहकार्य केलें, तरणाट्यां मदीं नागरी जापसालदारकी रुजोवपा खातीर निबंद सर्त आनी मॉक मतदान सत्र सारक्यो सर्जनशील कार्यावळी घडोवन हाडल्यो. तरणाटे लोकसंख्ये कडेन जोडपाच्या तिच्या दृश्टीकोनाक लागून तिच्या बूथांत पयलेच खेपे मतदार नोंदणींत 25% वाड जाली.

समाजाक शिक्षण दिवपा खातीर आनी सशक्तीकरण करपा खातीर तिणें केल्ल्या अथक परिश्रमाक लागून 95% मतदान जालें, जें जिल्ल्यांतलें सगळ्यांत चड मतदान जालें. सोशल मिडिया वरवीं बेगीन दुरुस्ती आनी जागृताय मोहिमे खातीर केवायसी एप्लिकेशनाचो लाभ घेवपा सारक्या तंत्रज्ञानाचो दिसपट्टो वापर, तिची अनुकूलताय आनी बांधिलकीन लक्ष केंद्रीत केले.

## 2024च्या सार्वत्रीक वेंचणूकेत मतदारांचो सहभाग आनी सुलभताय वाडोवप



**नांव: इश्फाक अहमद शाह**
**प्रभाग क्र. : 124 ड्रिनेन, 43 - अनंतनाग पश्चीम, राजौरी, जम्मू-काश्मीर केंद्रशासीत प्रदेश**

2024चें सार्वत्रीक वेंचणूकेचे तयारींत आमचें पयलें काम म्हणल्यार घरा कडेन मतदान करपाचें प्रक्रिये खातीर दिव्यांग मतदारांची आनी 85 वर्सां आनी ताचे परस चड पिरायेच्या मतदारांची वळख करून घेवप. बूथ पांवड्या वयल्या जागृताय गटाच्या (बीएजी) वांगड्यां वांगडा हांवें ह्या मतदारांक भेट दिवन तांकां घरा कडेन मतदान करप आनी ताचे फायदे हांची माहिती दिली. निमाण्या प्रस्तावा उपरांत आमी तीन मतदारांची वळख करून 12डी सावन संबंदीत एईआरओ कार्यालयांत सादर केली.

मतदारांचो आंकडो वाडोवपा खातीर आमी घरा घरांनी वचून मतदार माहिती स्लिप्स (व्हीआयएस) वांटल्यो आनी मतदारांनी केन्ना मतदान केलें ताचो वेळ लक्षांत घेवन तपशील बीएलओ रजिस्टरांत नोंद केलो. ताका लागून 2024 वर्साचे सार्वत्रीक वेंचणुकेंत 3 टक्क्यां वयल्यान सुमार 50 टक्क्यांचेर मतदान जालें.

मतदाना दिसा मतदान केंद्राचेर प्रथमोपचार सुविधांनी सुसज्ज आशिल्लें हॅल्प डॅस्क स्थापीत केलें. मतदारांक अनुक्रमांक दिवन मतदान कशें करचें हाचें मार्गदर्शन केलें. सुरक्षा दळा वांगडा रांक वेवस्थापन, ज्येश्ठ नागरीक आनी बायल मतदारां खातीर वेगळ्यो रांको करपाचें काम हांवें पळयलें.




## मतदान जागृताय तंत्रः
## प्रादेशीक गितांतल्यान मतदारां कडेन संवाद सादप.



**नांव :- पडराय विरळ रामणिकलाल**
**प्रभाग आंकडो :- 141**
**संसदीय मतदारसंघ :- 1 – कच्छ, 4 – अंजार, मिठा पासवरिया, गुजरात**

हांवें घरां घरांचें 100% सर्वेक्षण येसस्वीपणान पुराय केलें, आधार कार्ड जोडपाची खात्री केली, आनी 100% ऑनलायन पडताळणी सयत एक त्रुटी – मुक्त, पारदर्शक मतदार वळेरी मेळयली. म्हज्या मतदान केंद्रांतल्या दरेकी मतदारा कडेन आतां उच्च – दर्जाचे, रंगीत पीव्हीसी मतदार कार्ड, आनी कालबाह्य जाल्लीं वेंचणूक कार्डां (देखीक, GJ/01/005/...)"चुनाव पाठशाळा" सारक्या उपक्रमांतल्यान काडून उडयल्यात, हांवें चडांत चड प्रचार आनी सहभागाची खात्री करून व्यापक मतदार जागृताय मोहिमेचें फुडारपण केलें. ह्या यत्नांक लागून प्रभावी मतदान जालें, तातूंत 2019 वर्साचे संसदीय वेंचणुकेंत 91.60%, 2022 वर्साचे विधानसभा वेंचणुकेंत 95.47% आनी 2024 वर्साचे संसदीय वेंचणुकेंत 96.84% मोडपी विक्रम – म्हज्या बूथाक सगळ्यांत चड मतदान टक्केवारी मेळ्ळी. ह्या योगदानाचो भोवमान करून म्हाका राष्ट्रीय मतदार दिसा कच्छ जिल्ल्याचो प्रतिश्ठीत "उत्कृश्ट बीएलओ पुरस्कार" भेटोवन भोवमानीत केलो.

मतदान जागृताये खातीर "आवो भारत अया" ह्या कच्छी गिताचो वापर मतदारांच्या सहभागाक उर्बा दिवपाचें म्हत्वाचें साधन थारलां. एका सक्रीय शिक्षिकेच्या आनी ह्या गांवच्या उत्कृश्ट बीएलओच्या अथक यत्नांक लागून मिठा पासवरिया गांवांत उल्लेखनीय प्रगती जाल्या.

## वेंचणूक सहभागाचे सशक्तीकरण करप



नांव: रंजिता पाकेरा
मतदान केंद्र – 33, सिदमा, सामरी, बलरामपूर – रामानुजगंज जिल्लो, छत्तीसगढ

https://drive.google.com/file/d/1IltUprMYm99g2u52GC_51xNwHDBhxfAs/view?usp=sharing

URL चेर कृलकि करचें

## वेंचणूक सहभाग आनी डिजिटल आवटरीच वाडोवप

नांव: श्री. महद सादिक,(उत्कृश्ट बिएलओ, कारगिल जिल्लो – 2024)
मतदान केंद्र क्रमांक: 343 आतां 347- बारू, कारगिल, जम्मू-काश्मीर केंद्रशासीत प्रदेश

https://drive.google.com/file/d/1wJ8BPeT_wlwOX-__G4xhigl84spGi4r5/view?usp=sharing

URL चेर कृलकि करचें



## एनडीटीवीच्या कार्यावळी मजगतीं एक बीएलओ आपले अणभव पडबिंबीत



नांव: कु. अनिता मिंज
मतदान केंद्र क्रमांक : 425, पालामो, झारखंड

https://drive.google.com/file/d/1jrBsLIvg3opVaXyOL8wzz2Zh2de_Jk5D/view?usp=sharing

URL चेर कृलकि करचें

# लोकसभा सार्वत्रीक वेंचणूक 2024 चीं खाशेलपणां: लोकशायेच्या प्रगतीची गवाय

